# मनाचें नातें

## – फिलोमेना सांफ्रान्सिस्कोच्यो कविता



आशावादि प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

# मनाचें नातें

## कविता

– फिलोमेना सांफ्रान्सिस्को

**Manachem Naten** - *A collection of Konkani poems written by **Philomena Samfransisco**, transliterated & edited by **Valley Quadros** and published by Ashawadi Prakashan.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition : 2022 (Digital)

Cover : Ashawadi

Layout : Enigma Creations

Pages : 64 + 2

For communication **Email**: ashawadi@gmail.com

**WhatsApp**: 7021967880

# मनाचें नातें – प्रस्तावन (प्रसन्न निड्डोडी, मुंबई)

ज्या वातावरणांत आनी वठारांत मनीस जियेता ताचो प्रभाव ताचे व्यक्तित्वाचेर खंडीत पडता. त्याचपरीं एका कविचेर जाल्लो प्रभाव ताचे कवितेनीं तो उगडापो करुंक पाटीं सरना. तांतू कवीन भगल्ली आनी आनबोग केल्ली हर?येक घडी तो आपलें चिंताप आनी दिषटावो मिसळावन प्रसतूत काळाक सरी करून समाजेक आर्सो दाकयता. ही तांक फकत्त एका बळवंत कवीक आसता.

मनशामोलां, संवेदनशीलता आनी दुविदा आटापून एक कवी आपल्या कवितेनीं समाजेक आनी तांतल्या व्यवसतेक सवाल करून बदलावणेक आपवणें दिता. कवी आपलो आनबोग, सत–फट, बरें–वायट, घडचें–नाघडचें आपल्या उत्रांद्वारीं दाकंवचे प्रयत्न कर्ता. पूण वेळाकाळाक सरी जावन कितलें परिवर्तन हाडुंक तो सक्ता म्हळ्ळो वाद ताका लागू जायना तरी ताचें प्रयत्न तो सोडिना.

आज कांय थोडे कवी/ कवियित्री मनशासंवेदन, मनशामोलां, मनशा संबंध ह्या विशीं सूक्ष्मथरान आपलो दिषटावो आनी चिंतप आपापल्या कवितेनीं उजार कर्तात. ह्या कवी/कवियित्री पयकीं हावें व्हळकल्ली, असल्या वर्गाक सेर्वल्ली कवियित्री जावनासा बाय फिलोमिना सांफ्रान्सिसको. तिच्यो कविता साद्यो, प्रसतूत आनी सकारात्माक चिंत्पाच्यो. ती मुंबयत वसती करून, वाडोन मनशा संबंधांक लागसिल्यान वळकोन जाणा जाल्ली, मुंबयच्या कोंकणी वर्तुलांत नांव जोडल्ली प्रभुद्ध कवियित्री. ल्हानपणार थावन्‌च बरोंवची वोड तिका आसल्ली. विवीध नेमाळ्यानीं आपलीं बर्पां मुंबय आनी गोंयत उज्वाडाक आयल्यांत. तिचे रोमी आनी देवनागरी लिपिनीं एदोळ मेरेन दोन कविता संग्रह, दोन काणियां संग्रह आनी एक आणकार काणियां संग्रह प्रगट जाल्यात.

जिवितांतल्या घडितांनीं नातें मिसळावन आसल्ल्यान ह्यो कविता वाचप्या थंय आसक्त उबजायतात. जांव गांव वा पर्गांव, ग्रेसत वा दुबळो, व्हडिलां वा टिचर, आवय वा भयण, दायज वा कुटाम, धर्म वा संसक्रती हऱ्येक संगती आपल्या जिवितांत लागसिल्यान वोरावन पळेवन आपलेच साद्या शैलेंत कवियित्री फिलोमिनाबायेन आपल्यो कविता सादार केल्यात.

मनशा संबंधाविशीं बोव आपुरबायेची कविता 'मनाचें नातें' एका सामरियागारान या अनवळकिचा मनशा थावन बांदल्लो संबंध या मित्रता वर्णिता. हाका रगताचे नातें ना तरी मनाचे नातेंच पावता इश्टागातेचो बांद घट करुंक.

"कश्टांचो हुंवार
लोटून म्हजेर आयलो तेन्ना
मतीचो बांद बांदून
हुंवराचो लोट आडायलो....
... रगताचें नातें नासताना
मनाचें नातें जुळोवन
इश्टागतीचो रोंपो रोयलो...." एकामेकाचें नातें आशें आसुंक जाय, कुटमा संबंध नां तरी मनाचें नातें सदां उर्ता म्हणता ती.

होच संबंध मुकारून 'इश्टागतीची भर' ह्या कवितेंत 'इश्टिणीक दिल्ली भेट वसत(काणीक), इश्टागते प्रास किंमती(मोलाधीक) केदिंच न्हय म्हण ती विवरिता.

'हुंबऱ्यावयली पणटी', 'यादींची गांथन', 'अशा वेळार', 'धब्धबो', 'यादींची फुलां', 'दवरणें' इत्यादी कविता ह्याच वर्गाच्यो लागसिल्या आप्तपणाक उकलन धर्च्यो.

'दायजाचें घर', पूर्वजां थावन मेळल्ली आसत ती, ताणे कषट नासतां जोडल्ली दीस वेतां वेतां तांची साय मिटताना तें घर ताणे दुडवा आशेन पिड्ड्यार केलें.

.... पूण, जेन्ना सगळीं दारां बंद जालीं

तेन्ना, पूर्वजाचें घर ताका जळखलें
आपलें खरें आसतीत्व ताका येवजलें
वाट घर्ची तांकूंक ताणे चिंतलें.

पूर्वजांचो संबंध होगडावन आपल्या वाटेर कषट येताना ताचा माल्गड्यांचो उडास धोसता आनी तेदनां तें घर तांची याद काडून पूर्वजांक सोदित्त वेता.

’पासकांचो आयतार’ कवितेंत ती मनशा कश्ट वर्णिता, जर निमाणो सुक्रार नातल्लो तर पासकांचो आयतार आसतो ना, आनी कषटां उपरांत सूख खंडीत आसा म्हण दांबून ती सांग्ता.
जिविताचे वाटेर दुकाची कोडसाण पियेत्त ती जियेली आनी त्या दुकाचा आडांत सुखाची गोडसाण चाकोंक विस्रली म्हण आपल्या जिण्येची एक वोळ ती थोड्याच उत्रानीं पिंत्रायता, ’जिविताचो पेलो’ कवितेंत.

’आयज ना तर फाल्यां’ कविता आमचा जीवितांत कसलो दिषटावो दवरून मुकार चलोंक जाय तें विवर्सिता.

"आयज ना तर फाल्यां,
फाल्यां ना तर पर्वां,
केन्ना तरी एक दीस,
आल्तडी सावन पल्तडी,
वचुंकच जाय...." आनी तेदनां पऱ्यांत बर?या कर्तुवानीं जियेवंक जाय, पाड तें सर्ता, बरें तें उर्ता.

’जागो आडायलो’ मनशा आशेक गड ना म्हण ती सांग्ता. आजकाल आसती खातीर आंगालाप चडला, ’होय जागो जाय तोय जागो जाय’, पूण सांबाळतोलो कसो? आचानक मर्ताना कितें तो वरून वेतोलो?
"विचार पाचार आनीक करिनासतना
जम्नीचे हे सगळे कुडके तो

आपल्या नांवार करित्त गेलो
जागे आपल्या खातीर आडायत रावलो ..... " आज तरय हेंच घडता, आशा आनी स्वार्थ मनशापण विसर्ता.

'काम जालें वयज मेलो' ह्या कवितेंत गर्जेक पुर्तो देव आमकां जाय. दुकानीं आनी आडचेणेनीं ताचो उगडास आमीं काडतांव, नानांत्यो आंगवणो कर्तांव, वाती पेटयतांव, मिसां दितांव, ताका सर्पडतांव – बायलो आडंबर कर्तांव. जेदनां आमची गरज पूर्त जाता तेदनां आमीं सगळें विसर्तांव.

एक सोजेर देशाच्ये गडिचेर पारो कर्ता ताचो जीव रिसकेर घालून जनतेक राकोंक. हांगासर 'वाट तुजी पळेत्त आसां' कवितेंत सोजेराची आवय ताची सदां वाट पळेवन ताचा सुरक्षेक मागोन आपल्या काळजांतले गीत गावुंक रात्ता. केदनां तो आपल्या घरा येतोलो म्हण तिचीं भावूक भगणां ती आशी वर्णिता...

"तूं देख्ताय दारू गुळो
तूं सोसताय शिंयांचो कुल्कुलो
आनी हांव, काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक वाट तुजिरे पळेत्त आसां...."

मुकार अवय दुविदेंत आसोन तरी आशावादी जावन ताचा येण्याक रात्ता म्हणोन–

"केन्ना येतलोय खबर ना
येतलोयीच म्हूणोनूय खात्री ना.....
तरय पुता पर्तून तूं येतलोय घरा
देखून काळजांतले गीत गावुंक
वाट तुजिरे पळेत्त आसां..."

'उगडास येता गे मामा?' कविता एका स्त्रीयेची अंतरीक भगणां उजार कर्तात. भुर्ग्याक सदां व्हड कर्च्या कर्नेंक मतिंत हाडून ती "एक चली म्हण कळटकूच जल्म माका दिवंक ना म्हण गिल्ट फीलिंग जाता गे मामा?" म्हण समाजेच्या रिवाजिंक बोट जोक्ता.

काजार जांवच्या नोवऱ्याक होकले थावन कितें पुरा जाय, ताची आशा आनी स्वार्थ आपणाच्या तांकिच्याकी चडीत माफान घेवंक राकोन आसा म्हळ्ळी विडंबन भरल्ली कविता 'जायच जाय', समाजेच्या बेदभाव आनी व्यवस्थे विशीं आर्सो दाकयता.

"ताका सूट, बूट, टाय जाय
रावोंक घर जाय
सायकल, स्कूटर, मोटोर जाय
तीन चाकांची सायकल दिल्यार.... तिंवूय जाय
हेंवूय जाय, तेंवूय जाय
सगळेंच जायच जाय
ताका दोत नाका पूण
हें सगळें मात जायच जाय..."

'चलो हांव आसलों जाल्यार', ह्या कवितेंत, आयच्या समाजेंत एका चल्याक आसचो तो मान आनी मऱ्याद चलियेक ना, कित्याक चली पेल्या घरा वेची आनी चलो घर्चो दिवो आनी मुकलो खांबो! म्हण कवियित्री सांग्ता आनी आक्रेच्या वोळिंत आवयकच सवाल कर्ता आनी बोट जोक्ता "तुंवुंय एक चली न्हयगे?

"चलो हांव आसलों जाल्यार
माथ्यार माका घेवन नाचोन, आई
सर्ग धर्तरेर हाडटली आसली
चल्याची आपूण आव्य म्हूण मिरयताली आसली
कित्याकगे आई, कित्याकगे?
फक्त हांव चली म्हण?
पूण आई, तुंवुंय एक चली न्हयगे?

ह्या जम्यांत तीस कविता आटाप्तात आनी हर?येक कविता सोंप्या रितीन फिलोमिनाबायेन वर्णिल्यात. हर?येका कवितेंत कितें तरी शिकोंक आसा आनी चड करून आमचा कुटमा विशीं, आवय विशीं, सोजेरा विशीं, धुवे विशीं, मोगा विशीं, इश्टागते विशीं, आनी लागसिल्या संबंधा विशीं बोव आपुरबायेन तिणे, नातें कशें घडोन येता, आनी कितें सर्व घडोंक साध्य आसा तें ती बोव आपुरबायेन सांग्ता. मनशाच्या चाल्त्या जीवनांत घडच्या घडितांक आनी तांचा संबंधा विशीं बोव सूक्ष्मथरान काळजाक तोप्ता. हर?येक नातें जांव काळजाचें, रग्ताचें या मतिचें मनशाक गर्जेचें म्हण ती आयच्या समाजेक भिरांतेवीण सांग्ता.

बोली आनी उन्रां गोंय आनी मराठी भाशेक सरी जाल्लीं ह्या कवितेनीं दिसतात कित्याक ती गोंय आनी मुंबयत वाडल्ली. पूण उन्रां सरळ आनी संपी लाग्तात जाल्ल्यान मंगळुरी या नवयिती कोंकणी उलयतेल्यांकय आर्थ कर्न घेवंक सलीस जाता. कविता शेतांत ती बरीच हेळ्ळ्या जाल्ल्यान तिच्यो कविता वाचुंक सरळ लाग्तात आनी मनशा संबंधाचो अनबोग करून दितात. फिलोमिनाबायेच्या ह्या कविता जम्याक सर्व बरें माग्तां.

**–प्रसन्न, निड्डोडी.**

## वळोक – **फिलॉमेना सांफ्रान्सिस्को**



कोंकणी साहित्याच्या मळार फिलोमीना साँफ्रांसिस्को हें नांव आतां वळखीचें जालां. ताणें आपणाले बरपावळीची सुरवात ल्हान पिरायेर केली. मागीर “ दर म्हयन्याची रोटी ”, “ वावराड्यांचो इश्ट ”, “ नवें गोंय, कोंकण मेल”, “ गुलाब ”, “ गोवन रिव्हयू ”, आदी नेमाळ्यांनी तागेली बरपावळ नेमान उजवाडाक येवंक लागली. ताणें बरयिल्ल्या निबंद – काण्यांक नेमाळीं आनी संस्थां कडल्यान इनामांय लाबल्यांत मुंबय, गोंय, कर्नाटकांत, केरळांत तशेंच दिल्लींत जाल्ल्या कवी संमेलनांनी ताणें वांटो घेतला. आकाशवाणीच्या मुंबई केंद्रावेल्यानूय ताणें कविता, कथा वाचनां केल्यां. तें मुंबयंत रावतालें. सद्या गोयांत.

<u>ताची उजवाडाक आयिल्ली बरपावळ</u>

१. म्हजो दिस्टावो: काणयां संग्रह ट्ट देवनागरींत आनी रोमी लिपींत २००५ ट्ट २००८

२. ओंपता तें पिकता ( सान काणयां संग्रह ट्ट २००८ ).

३. टुनटुनीच्यो काणयो ( उपेंद्रकिशोर राय चौधरी हांगेल्या बंगाली काणयांचो कोंकणी अणकार ट्ट २०११).

४. हुंबऱ्यावयली पणटी ( कविता संग्रह – २०११).

५. गुलमोहर ( कविता संग्रह ट्ट २०१५ ).

# अर्पण




## ग्रेगरी सांफ्रँसिस्को, म्हज्या देङ्गीक अर्पण

# मनाचें नातें

खोशेचो दीस तो ताचो,
तितलेच खोशेचो
म्हाकाय बी;
आनी, कित्याक आसचो न्हय?
जाणें म्हज्या आकांतांत
म्हज्या आकांता येदो
वांटो घेतलो;
माथ्यावयलो म्हज्या
दुखाचो जोड भोरो
समॅरीटन जावन उबारलो;
कश्टांचो हुंवार
लोटोन म्हजेर आयलो तेन्ना
मदतीचो बांद बांदून
हुंवाराचो लोट आडायलो;
अडचणीच्यां कुपांतल्यान
पार हांवें जावपाक
सातूय रंगां सयत

इंद्रधोणू म्हाका दाखयलो;
रगताचें नातें नासतना
मनाचें नातें जुळोवन
इश्टागतीचो रोंपो रोयलो; तर
रोंपो हो इश्टागतीचो
खोशेच्या उमाळ्यांनी
कित्याक हांवें शिंपचो न्हय?
खोशेंत ताचे
इश्टागतीची भर
कित्याक हांवें घालची न्हय?
देखून, खोशेच्या त्या दिसा
इश्टागतीचें प्रतीक समजून
भेट वस्त ताका हांवें
मनापासून भेटयली;
तर म्हुणो लागलें;
" खूब किमती मगो? "
आतां हाका हांवें
समजांवचें तरी कशें?
हांवें म्हळें:
"हय, किंमती, खूब किमती,"
" कितली?"
"कितली ? सांगूं कितली "
तुजे इश्टागतीपरस
सुबेज किंमती
न्हय गो ती."

# दायजाचें घर

दायजाचें ताचें घर तें
पूर्वजांनी ताच्या बांदलेलें
कश्टांच्या चिऱ्यांनी उबारलेलें
फुडाराच्या सपनांनी नेटयलेलें.

कपलावयलो घाम लेगीत पुशीनासतना
दीस रात म्हण कांयच पळयनासतना
रगताचें उदक ताणीं केलेलें
काळजांतल्या आपल्या मोगान सजयलेलें.

काजू आंब्यांनी घर रेवडलेलें
झाडां माडांनी श्रृंगारलेलें
भुरग्यांच्या किलकिलाटांत जिवाळ आसलें
उमेदीच्या ल्हारांचेर उफेतालें.

अकस्मात उमेदीर पूर्वजांचे विर्जन पडलें
पणटुरान तांच्या ओमत्या कळश्यार उदक केलें
नोटांच्या बंडलांक भुलोन ताणें
पूर्वजांच्या आसपतीचें निसणटण केलें.

तरूय, ताच्या काळजाची तार झिणझिणली ना
जीव ताचो बिलकूल आकूळ पिकूळ जालो ना
पूर्वजांची आपल्या याद मिटयताना
दोळ्यांनी ताच्या दुखां गळयलींना.

पूण, जेन्ना सगळीं दारां बंद जालीं
तेन्ना पूर्वजांचे घर ताका जळखलें
आपलें खरें असतीत्व ताका येवजलें
वाट घरची तांकूंक ताणें चिंतलें.

पूण, वाटेची लांबाय कोणें मेजल्या?
तरूय आंकांतान तो आतां चलत आसा, चलत आसा,
पूर्वजांची आपल्या याद काडीत आसा, काडीत आसा,
शेणलेल्या आपल्या घरची वाट सोदित आसा, सोदित आसा.

# पासकांचो आयतार

म्हज्या म्हाकाच
म्हणलें हांवें :
हांव अशीं कित्या बेजार?
रात दीस, दीस रात
माथ्यार ह्या म्हज्या
चिंतनांचो कित्याक भार?
अडी ट्ट अडचण्यो,
कश्ट, दोग्द,
विगनां ट्ट अरिश्टां,
वादळ ट्ट मोडां
म्हज्याच कित्याक बोडार?
संवसारांतलें सगळें दुख
म्हज्याच वांट्याक कित्याक?
उमाणें हें सोडोवपाक
नासलो म्हाका थार;
मागीर, मनार म्हज्या
पडलो उजवाड,
कळ्ळें म्हाका
नासलो जाल्यार
निमाणो सुकरार,
उदेंवचो नासलो
पासकांचो आयतार .

# जिवीताचो पेलो

जिविताच्या पेल्यांतली
दुखाची कोडसाण
पियेत, पियेत
हांव जगलीं;
पूण, त्याच पेल्यांतली
सुखाची गोडसाण मात
चाकुंकूच विसरलीं.

# आयज ना तर फाल्यां

आयज ना तर फाल्यां
फाल्यां ना तर परवां
केन्ना तरी एक दीस
आल्तडी सावन पल्तडी हांवें
वचुंकुच जाय.

बऱ्या वायट कर्तुबांचो
कोंत हिशेब हांवें
देवा फुड्यांत
मांडुंकूच जाय;
मांडलेल्या ह्या
हिशेबाचो म्हज्या

कसलो तरी फैसलो
जावंकूच जाय;
आयज ना तर फाल्यां
फाल्यां ना तर परवां
केन्ना तरी एक दीस
आल्तडी सावन पल्तडी हांवें
वचुंकूच जाय.
तर,
मरणाच्या हुसक्यान जगपाची
टाळणी हांवें
टाळूंक जाय,
हुसक्यांचे आडांबे
लोटून, धुकलून
उडोवंक जाय,
तेच आडांबे घेवन
मरणाचे फाटीक हांवें
लगूंक जाय; आनी
मरणान म्हजी फाट
धरचे आदीं
जिवित म्हजें हें
दोन ट्ट चार दिसांचें
थाटामाटान हांवें
जियेवंक जाय; हय
थाटामाटानूच हांवें
जियेवंक जाय.

# जागो आडायलो

ताणे तो शेताचो कुडको पळयलो
पळयतनाच ताच्या मनांत तो गेलो,
फाटीं फुडें कांयच पळयनासतना
फुडली चौकशी कसलीच करीनासतना
कोणाच्या तरी नांवावयलो
शेताचो कुडको ताणें तो
आपल्या नांवार केलो; जागो आडायलो.

फुडें, ताका भाटाचो कुडको दिसलो
उपरांत शेजाऱ्याच्या घरा कुशीचो
आयस पायस ओट्टाचोय कुडको दिसलो;
विचार पाचार आनीक करीनासतना
जमनीचे हे सगळे कुडके तो
आपल्या नांवार करीत गेलो,
जागे आपले खातीर आडायत रावलो
हुसक्या विणें जियेत आसलो.

एक दीस अकसमात तो मेलो,
मेलो, आनी उबोंत पडलो,
उबोंत पडलो, आनी चिंतुंक लागलो,
जागो आडायलो तो पापया, खंय म्हूण आडायलो?
जंय जागो सांबाळूंक जाय आसलो,
जंय सासणांक जागो आडावंक जाय आसलो,
ताचो ताणें चुकून लेगीत
मात्तूय विचारूच करूंक नासलो.

# काम जालें वैज मेलो

दुयेंत पडटकूच
आकांताच्या वेळार,
एकांतांत साररेल्या वेळार
पयलो उगडास येवचो तो
सर्गींच्या दोतोराचो ट्ट देवाचो;
मागीर हांवें देवाक
पराथचें,विनवचें,सरपट पडचें,
सामकीं भावीक जावन
देवाक हांवे म्हणचें :
“म्हाका पाव देवा,
म्हाका बरें कर देवा,
वाती तुकां पेटयन देवा,
फुलां तुकां घालीन देवा,
मिसां तुकां भेटयन देवा,
पूण एकदां हांतूंतलें
निवार म्हाकां;”
पूण जाता कितें?
काम जालें, वैज मेलो, तशें;
देवाचें सांगणें आयकूंक
कान म्हाका खंय आसात?

जिविताच्यां राटावळींनी
कान म्हजे भेरेल्यात,
हें काम, तें काम
करता म्हुणसर
वेळ म्हाका पावना,
एकांतांत वेळ सारूंक
वेळूच म्हाका मेळना,
तर, देवाचें सांगणें
कान दिवन हांवें
केन्ना म्हण आयकूंचें?
केन्ना?
परत एकदां दुयेंत पडटकूच?
हय? परत एकदां दुयेंत पडटकूच?

# वाट तुजी पळेत आसां

काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.
तूं राखताय
देस आमचो,
तूं अर्पिताय
जीव तुजो; आनी हांव

काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.
तूं देखताय
दारू गुळो,
तूं सोसताय
शिंयांचो कुलकुलो; आनी हांव
काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.

तुं भोगताय
भुकेचे वळवळे,

तुं अणभवताय
घायांचे मिरमिरे; आनी हांव
काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.
केन्ना येतलोय
खबर ना,
येतलोयच म्हूणोनूय
खातरी ना; आनी हांव

काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.
तरूय पुता
आस्त आसा,
परतून तूं
येतलोय घरा; देखून
आनी देखूनूच हांव

काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.

# मांय

मांयन जल्मांत म्हाका हाडलें
आपलें दूद म्हाका पिवयलें
रगताचें आपल्या उदक केलें
ल्हानांतलें म्हाका व्हड केलें.

पावसाच्या व्हरांदारींतल्यान
कांट्यां खुट्यांच्या वाटेंतल्यान
वाट काडीत रावन मायन म्हजे
थिकाण्यार म्हज्या म्हाका पावयलें.

सुख दिलें, समाधान दिलें
कुरपेन भरलेलें आपलें बेसांव दिलें
संवसारांतलें व्हडलें देणें दिलें
मागनासतना म्हाका जिवीत दिलें.

जिवितांतलीं मोडां झेलूंक
धिटायेचें म्हाका बळगें दिलें
पुस्तकांनी शिकोवंक नज तितलें
आपले देखीन म्हाका शिकयलें.

जिणेचें व्हडें तांडूंक
विसवासाचें म्हाका बळ दिलें
कश्टांचे दोंगोर चडूंक
मनाक म्हज्या उत्तेजन दिलें.

शेवटीं मांयच्या जिवीताची दोरी
पिडेची तलवार कातरीत रावली
हॉसपीटलांत मांय यो वच करी
प्रत्तेक पावट परत घरा येताली.

पूण पिडेन मांयची फाट सोडली ना
हॉसपीटलीचें दर्शन तिका
घडयल्या बगर रावली ना
हे पावट मात मांय परत घरा आयली ना;
मांय परत घरा आयलीच ना.

# उगडास येता गे मामा?

केन्ना तरी तुकां
उगडास म्हजो
येता गे मामा?

बायेक उंडी भरयतना
भोभो ताका खावयतना,
बायेक उदक न्हाणयतना
आंग ताचें पुसतना,
बायेक पावडर मारताना
परमळ ताचो हुंगताना,
बायेक मांडयेर बसयतना
काणी ताका सांगताना,
बायेक खांदार न्हिदयतना
सकाळीं ताका उटयतना,
बायेचे केंस उगयतना
तांबडें लीग लायतना,
बायेक शाळेंत व्हरतना

ए, बी, सी, ताका शिकयतना,
बायेक मोटोरांत भोंवडायतना
एस्सेलवल्ड ताका दाखयतना,
बायेक ड्रेस शिंवताना
नवे मोचे हाडटना,
बायेक वेंगेंत धरतना
किशू ताचे घेतना,
बायेचे लाड करतना
उगडास म्हजो येता गे मामा?

हांव चली म्हूण कळटकूच
जल्म म्हाका दिवंक ना म्हण
गील्टी फीलींग जाता गे मामा?
केन्ना तरी तुका
उगडास म्हजो
येता गे मामा?
जायच जाय
ताका पन्नास लिबरां भांगार जाय
जोग, कांकणां, सरपळी जाय
मास्कोत, कानांतलीं, मुदी जाय; आनी......
पांयजणां दिल्यार..... तिंवूंय जाय

ताका टी.व्ही., विडयो, रेडयो जाय,
फ्रिज, मिशीन, गॅस जाय,
कोबॉड, सोफा, खाट जाय; आनी .....

मोनकुटो दिल्यार..... तोवूय जाय.

ताका सूट, बूट, टाय जाय,
रावूंक घर ना, घर जाय,
सायकल, स्कूटर, मॉटॉर जाय; आनी
तीन चाकांची सायकल दिल्यार.... तिंवूय जाय.

चलोवंक नकळो तरुय होन्जा जाय,
वाजोवंक नकळो, तरूय गिटार जाय,
आयकूंक उणें येता, तरूय सी.डी.जाय; आनी....
दाट हारश्यांचीं वोकलां दिल्यार...... तिंवूय जाय .

हेंवूय जाय, तेंवूय जाय,
सगळेंच जायच जाय;
कारण, तो एक भिकारी न्हवरो,
ताका दोत नाका; पूण
हें सगळें मात जायच जाय, जायच जाय.

# असलेयबी मनीस

आपुणूय जियेनात; आनी दुसऱ्यांकूय जियेवंक दिनात.

आपल्यो त्यो हिकमती,
दुसऱ्याच्यो चुकी; पूण
हांव हांसतां देसाक, आनी
देस हांसता म्हज्या भेसाक
म्हण तांकां खबर ना.
असले हे मनीस,
आपुणूय जियेनात; आनी दुसऱ्यांकूय जियेवंक दिनात.

आयज आदनांतले रडटात
तर सुपांतले हांस – हांस हांसतात,
तरणें पान हांसता पिकलेल्याक;
पूण आयज म्हाका, फाल्यां तुका
म्हूण तांकां खबर ना.
असले हे मनीस,
आपुणूय जियेनात; आनी दुसऱ्यांकूय जियेवंक दिनात

आसलेल्या लागीं मागचें,
नासलेल्याक दिंवचें म्हूण आसलें,
तरूय, गिरेस्ताचो सुट्टा म्हणसर पयसो
गरिबाचो मरता भुरगो
म्हूण तांकां खबर ना.
असले हे मनीस.
आपुणूय जियेनात; आनी दुसऱ्यांकूय जियेवंक दिनात

आपल्या दोळ्यांत आसतना पाटी
दुसऱ्याच्या दोळ्यांतलें
नासलेलेंच काडटात कुस्कूट,
पूण आपली फाट आपल्याक दिसना
म्हूण तांकां खबर ना.
असले हे मनीस.
आपुणूय जियेनांत; आनी दुसऱ्यांकूय जियेवंक दिनात

आडेचें उदक नारलांत घातल्यार
उदक कशेंच गोड जायना,
मोराचीं पांखां लावन
कावळो कसोच मोर जायना
म्हूण तांकां खबर ना.
असले हे मनीस,
आपुणूय जियेनांत; आनी दुसऱ्यांकूय जियेवंक दिनात

फुलूच्या खुस्तार खोजने मारतात,
रगड्या खुस्तार सान्नां खातात,
आयत्या बिळांत नागोबा रावता;
पूण एका हातान ताळयो पेटनात
म्हूण तांकां खबर ना
असले हे मनीस,
आपुणूय जियेनात; आनी दुसऱ्यांकूय जियेवंक दिनात

रांदलेलें तें सरता,
केलेलें तें सदांच उरता,
जिवीत समजुपा खातीर नासता,
जिवीत जगपा खातीर आसता
म्हूण तांकां खबर आसा;
असलेयबी मनीस आसात; जे
आपुणूय जियेतात; आनी दुसऱ्यांकूय जियेवूंक दितात

# यादींची गांथन

तिंठ्यावेल्या त्या
निस्तेकान्नी भाशेन
हांवूंयबी
जिविताच्या म्हज्या
तिंठ्यार बसतां,
यादींची म्हज्या
गांथन गुंथतां,
कवितेचे पोंवळेर
ती नेटयतां; आनी
रसिकांक भेटयतां; ना मोलावणी,
ना वांटपण;
फकत गोड ट्ट कोडू
यादींची म्हज्या
गुंथलेली ही गांथन
मोगाचे रांदनीर दवरून
काळजाच्या कुंडल्यांत
तोवसून, शिजोवन, रसीकांनी म्हज्यां
स्वाद चाखपा खातीर.

# हुंबऱ्यावयली पणटी

दीस सरून जशी सांज अस्तमता
रातीक येवकार दिवपाक, तशीच
जीण म्हजी सरून सांज जिवीताची अस्तमता
याद धुवे तुजी करतां, वाट पळेतां
पणटी पेटोवन हुंबऱ्यार बसल्यां
तुका येवकार दिवपाक.

काळखांतलो उजवाड जावंक तुका शिकयल्लें,
शेणलेल्यांची दिशा जावंक सांगिल्लें,
निराधाऱ्यांचो आदार जाशी म्हूण चिंतिल्लें,
ओमथ्या कळश्यार उदक कित्याक गो तुंवें केलें?

दोळ्यांक झगझगपी त्या भांगरान
दिशा धुवे तुजी गो बदल्ली,
सरळ दिसपी ते चकचकीत वाटेन
वाट धुवे तुजी गो चुकयली; पूण

हुंबऱ्यावली पणटी ही
मिणमिणट्या आपल्या उजवाडान
घरची वाट तुकां दाखोवन
पावलां तुजीं हुंबऱ्यार म्हज्या हाडीत गो?

# अशा वेळार

आंगणांत दिव्यांचो
प्रकाश लकलकतालो,
घरांत संगिताचे
सूर खेळटाले,
मनांत खोशालकायेची
झर व्हांवताली,
काळजांत सुखाचीं
ल्हारां पेंवतालीं.

अकस्मात....
लकलकतले दिवे पालवले.
काळोखूच काळोख जालो,
संगिताचे सूर शेणले,
शिमितरींतली शांती पसरली,
खोशालकाय पळून गेली, आनी
परतुपाक वाट चुकली,
सूख ना नपयत जालें, आनी
घरची दिशा विसरलें.

अशा वेळार.....
एकूच दिवो पेटलो
फोलेर कसो चमकलो,
भिरांत पयस करून
भरवंसो म्हाका दिलो,
निराशा धांवडावन
जीव आशेन भरलो,
दिशेक दिशा दाखोवन
संवसार म्हजो राखलो;
हो दिवो तेन्ना आसलो,
आयजूय आसा.
हो दिवो
तूं.

# धबधबो

काळजाचे म्हजे खरीक
दुखाची झर फुट्टा, आनी
दुखांचो धबधबो जावन
दोळ्यांतल्यान सळसळीत
व्हांवत रावता;
वाटेर मेळटल्या
कश्टांच्या कांट्यांतल्यान
दोगरदांच्यां दोंगरांतल्यान
वांकडी ट्ट तिंकडी
वाट काडीत
नितळ, निर्मळ
वाट कश्टी
तांकोत रावता,
फुडली दिशा
सोदीत रावता
सुखाच्या समदीराक मेळपाची.

# कशें म्हणूं?

वाऱ्याची लाट
म्हाका रे
दिसना देखून
वारें ना
हांव म्हणिना

तर
स्पर्श करपी
देवाचो हात
म्हाका झळखना देखून
देव ना
हांव कशें म्हणूं?

# यादींची फुलां

एक एक रंगीत फूल
तुजे रंगीत यादींचो
परमळीत झेलो जावन
रात उजवाडायतेल्या
मंद चान्न्याच्या
उजवाडा परीं
मनाक म्हज्या
परमळान तुज्या
भुलयता;
सुखाच्या पाळण्यांत
धोलयता;
उमेदीच्या पतंगांत
उबयता;
खोशयेच्या तालार
नाचयता;
आनीक एक फावट
तुजेशीं पावयता;
रंगीत यादींच्या
तुज्या संवसारांत.

# मरपाचें आसल्यारूय

जिवितांतले कश्ट हे आमी
भोगुंकूच जाय,
खरशेत धांपेत
आडमेळ्यांचे दोंगोर आमी
चडुंकूच जाय,
जिविताची ह्या गाडी आमी
चलोवंकूच जाय;
अंत मेरेन धांवडी आमी
धावूंकूच जाय;
आनी, केन्ना तरी आमकां
मरपाचें आसल्यारूय,
आयचो दीस तर आमी
जगोंकूच जाय.

# केन्ना तरी

केन्ना तरी हांव,
म्हज्या आवय बापायचे उपकार आठयतलीं
तांचो खूब मोग करतां म्हूण
करण्यांनी तांकां दाखयतलीं;
केन्ना तरी!

केन्ना तरी हांव
एक चीट बरोवंक बसतेलीं
म्हजें जिवित घडयल्ले खातीर
म्हज्या शिक्षकाक दिनवासतेलीं;
केन्ना तरी!

केन्ना तरी हांव
गरीब म्हज्या शेजाऱ्याची
भूक मिटोवंक हालचाल करतलीं
ताच्या कश्टांनी सामील जातलीं
केन्ना तरी!

केन्ना तरी हांव
वातीच्या उजवाडांत शिकपी
शेजारच्या त्या गरीब शिकप्याक
देसाचो अभिमान जावंक उर्बा दितलीं;
केन्ना तरी!

केन्ना तरी हांव
म्हजें म्हाकाच विसरतेलीं
आनी निरासरी भुरग्यांक भेट्टेलीं
तांच्या काळजांत खूब मोग भरतेलीं,
केन्ना तरी.

केन्ना तरी हांव
शाळेंतले म्हजे इश्टिणीक कार्द धाडटेलीं
आनी केन्ना तरी आमी इश्टिणी आसल्यांव म्हूण
ताका हांव उगडास करून दितलीं;
केन्ना तरी.

हय; हें सगळें हांव करतेलीं
नक्कीच करतेलीं,
केन्ना तरी;
पूण “ केन्ना तरी ” कित्याक?
आयज कित्याक न्हय?

# दवरणें

सूख म्हाका
 सूख दिवन
उपकाराचें वजें
माथ्यार म्हज्या
दवरता;
तेन्ना
दुखाचें दवरणें
फुडें येवन
वजें हें
आपल्या माथ्यार
घेता;
आनी
सुखाच्या उपकारांतलें
मुक्त म्हाका करून,
दुखाचे दुखींतल्यान
प्राप्त जाल्लें सूख
अणभवूंक म्हाका शिकयता.

# चलो हांव आसलों जाल्यार

चलो हांव आसलों जाल्यार
कान म्हजो पिळून, आई
रांदूंक म्हाका बसोवची नासली
नोण्णी काडूंक धाडची नासली
कारखान्यांत म्हाका राबोंवची नासली

चलो हांव आसलों जाल्यार
हाताक म्हज्या धरून, आई
शाळेंत म्हाका व्हरतली आसली
कॉलेजीकूय धाडटली आसली
वकील म्हाका करतली आसली

चलो हांव आसलों जाल्यार
पेट म्हाका घालून, आई
शिरपुटां पुंजांवंक धाडची नासली
कपडे उंबळूंक सांगची नासली
उदक बांयचें व्हांवोवंक लावची नासली.

चलो हांव आसलों जाल्यार
रीण लेगीत काडून, आई
फॉरेनाक म्हाका धाडटली आसली
सोयरिको म्हाका सोदतली आसली
लाखांनी दोत घेतली आसली

चलो हांव आसलों जाल्यार
माथ्यार म्हाका घेवन नाचोन, आई
सर्ग धरतरेर हाडटली आसली
चल्याची आपूण आवय म्हूण मिरयतली आसली
कित्याक गे आई?
कित्याक गे?
फक्त हांव चली म्हण?
पूण आई, तुंवूंय एक चली, न्हय गे?

# देणीं

देवान म्हाका कान दिल्यात
अंतस्करणाचो म्हज्या आवाज हांवें आयकुपा खातीर

देवान म्हाका हात दिल्यात
जमनीर शेवटोलेल्याक मळबा इतलो वयर हांवें उबारपा खातीर

देवान म्हाका पांये दिल्यात
वाट चुकलेल्याक पावलांच्यो म्हज्या निशाण्यो हांवें सोडपा खातीर

देवान म्हाका जीब दिल्या
साडेसाती फाटीक लागलेल्यांचे मिरमिरे हांवें चाखपा खातीर

देवान म्हाका आवाज दिला
अन्याय सोंसतेल्यांक न्याय हांवें मेळोवन दिवपा खाती

देवान म्हाका बळ दिलां
निर्शेल्ल्यांक फाटबळ हांवें दिवपा खातीर

देवान म्हाका दोळे दिल्यात
पिडेस्तांच्या तळमळ्यांची वोळोख हांवें घेवपा खातीर

देवान म्हाका थिकाण दिलां
शेणलेल्यांक परत घरां हांवें हाडपा खातीर

देवान म्हाका सूख दिलां
दुखेस्तांच्या दुखाचो अणभण हांवें घेवपा खातीर

देवान म्हाका घराबो दिला
एकसुरपणांत जियेतल्यांचो सांगात हांवें करपा खातीर

देवान म्हजेर देण्यांचो हो पावस वतला
सगळ्यांचेर देण्यांचो हांवें शिंवर मारपा खातीर

सगळ्यांक देण्यांनी हांवें भिजवपा खातीर
देणीं दितेल्याशी ओडून तांकां हाडचे खातीर.

# रूपडीं

चिंतलेल्या चिंतनांनीं
उलयलेल्या उतरांतल्यान
साखर जावन
शेजाऱ्याची चाव
गोड केलेली जाल्यार....

चिंतलेल्या चिंतनांनीं
चल्लेल्या पावलांतल्यान
पांयवाट जावन
निशाणी शेजाऱ्याक
दवरलेली जाल्यार....

चिंतलेल्या चिंतनांनीं
केलेल्या करण्यांतल्यान
सायरिनीचो सिमांव जावन
शेजाऱ्याचो खुरीस
उबारलोलो जाल्यार...

जाल्यार...
रूपडीं घालून
भोंवची कोणाक
कसलीच गरज
पडची नासली.

# कोणाक सोदता?

जिवी आसतना
आवय तुजी
नदरेक तुज्या
ती केन्ना रे
पडलीच ना.

मातयेच्या आतां
फोंडांत तूं
आकुळ ट्ट पिकूळ
पिसांतूर जावन
कोणाक रे सोदता?

# खंय रे तूं आशिल्लो?

एकलींच हांव आशिल्लीं
एकसुरीं दीस सारतालीं
याद तुजी खूब काडटालीं
सपनां तुजीं सपनेतालीं

ल्हान बाबुलो तूं आसतना
वेंगेंत घेवन खेळयतालीं
हाताक धरून चलयतालीं
हट्ट तुजे सगले पुरयतालीं

दुयेंत तूं पडटकूच
काळीज म्हजें फुट्टालें
पिश्या परीं मन म्हजें
आकांतून रे रडटालें

धाकटुलो म्हजो बाबुलो
खंयच्यानूच व्हड जालो
लग्न जालो, संवसार उबारलो
म्हाका सोडून पयस गेलो

पयस गेलो आनी थंयच रावलो
संवसारांत आपल्या गुंथून गेलो
केन्नाय दुडू धाडीत रावलो
घरा येवंक मात वाट विसरलो

दीस गेले, वर्सां धांवलीं
खंयच्यानूच हांव म्हातारीं जालीं
पळोवंक तुका खूब आशेतालीं
दोन उतरां उलोवंक सोदतालीं

केन्नाय असो भास जातालो
बाबुलो म्हजो घरा येतलो
“ मांय ” म्हूण म्हाका हडकितलो
सपनांतलो म्हाका जागयतलो

दाराक दोळे लावन बशिल्लीं
वाट तुजी उमळशिकेन पळेतालीं
नदर तुजेर घालतेलीं आसलीं
आस्त म्हजी भागयतलीं आसलीं.

पूण बाबा, तूं आयलोच ना
खबर म्हजी घेतलीच ना
याद म्हजी तुका रे आयली ना?
घरा येंव ल्शें दिसलें ना?

आतां मात तूं धांवून आयलो
धांपलेले म्हजे दोळे उगड म्हूण
रड रड खूब तूं रडलो,
इतले दीस खंय रे तूं आशिल्लो?

# नशीब

हांव सोदतां सूख,आनी
म्हाका सोदता दूख;
हांव देखतां सुखाक, आनी
सुख देखता म्हाका;
तेन्ना नदरे मदेकात आमच्या
धांवून येता दूख;
तरूय, चुकोवन नदर
पदरांत म्हज्या
पडटा सूख;
पूण घोणीन पिलाक
ज्यूस्त उखलून व्हरचें
तशें,चोपको मारून
सुखाक म्हज्या

व्हरता दूख

# उतरां

काळजाक म्हज्या
पीळ घालपी
उतरां तुजीं,
दोळ्यांतल्यान म्हज्या
दुकां जावन
व्हांवत आसात;
व्हांवत आसतलीं.
कित्याक,

जेन्ना सावन
उतरां तुजीं
काळजाक म्हज्या
भाले जावन
तोपलीं,रोंबलीं,
तेन्ना सावन
काळजांत म्हज्या
दुखाची खोल
झर फुटली
व्हांवत रावली.
व्हांवत आसा; आनी
काळीज म्हजें
दुखाचो एक
दर्या जाला;
देखून,
जे मेरेन
दर्याचें उदक
ल्हारां जावन
खडपांचेर
आदळतलें,
आदळत रावतलें,
ते मेरेन
उतरां तुजीं
काळजार म्हज्या
आपटतलीं,
आपटत रावतलीं.

# तें आनी हांव


तें हांसलें, हांव हांसलीं,
सांगातान दोगांय हांस ट्ट हांस हांसल्यांव;
तें रडलें, हांवूंय रडलीं,
दोळ्यांतलीं दुकां ताचीं हांवें पुसलीं;
हांव हांसली,तेंवूंय हांसलें,
सांगातान दोगांय हांस ट्ट हांस हांसल्यांव;
हांव रडलीं, रडत आसलीं,
वांगडा म्हजे तें रडलेंच ना,
तें हांसत रावलें, हांसत उरलें,
दुकां म्हजी ताणें देखलींच ना.

# तुका दिसता तशें

तुकां जें दिसता
तें म्हाका दिसना,
आनी म्हाका जें दिसता
तें तुका दिसना,
पूण, तुका जें दिसता
तें म्हाकाय बी दिसचें
असोय कांय नेम ना;
म्हाका जें दिसता
तेंच हांव पळेतां,
आनी जें हांव पळेतां
तेंच म्हाका दिसता;
मागीर, तुज्या दोळ्यांचीं
वोकलां काडून तूं
म्हज्या दोळ्यांक लावूंक
कित्याक रे धडपडटा?

# धिन्वास तुमकां

आशावादी प्रकाशनाच्या डिजिटल मिसांवाक पाटिंबो दिलेल्या तुमकां समेस्तांक काळजामनाचे धिन्वास



- मानेस्त रोनालड कोलासो, दुभाय
- मानेस्त फेलिक्स लोबो, खतार
- मानेस्त मायकल डी'सोज, दुभाय
- मानेस्तीण मोनिका डे'सा मथायस, डबलीन
- मानेस्तीण मागदलेन बारबोज आनी कुटम, शीरवां
- मानेस्त रोनालड मोंतेरो, कटपाडी
- मानेस्तीण लिनेट डी'सोज, मुंबय
- मानेस्त स्टेनरो, अजेकार
- मानेस्त उदय म्हांबरो, गोंय
- मानेस्त कोनी डि'कोस्ता आनि कुटाम, नवी मुंबई
- एक अभिमान